**जिल्हो पंचायत वांगड्यांचो सोपूतविधी**

ता. 21 डिसेंबर 2020

उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हो पंचायतीचेर वेंचून आयिल्ल्यां 50 जिल्हो पंचायत वांगड्यांक आयज सचिवालयांतल्या परिशद सभाघरांत आयोजीत कार्यावळींत सोपूत दिलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी पंचायत मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो ह्या कार्यावळीक हजर आशिल्ले. पंचायत संचालक श्री. नारायण गाड हांणी नवीन वेंचून आयिल्ल्या जिल्हो पंचायत वांगड्यांक पदाचो सोपूत दिलो.

ह्या वेळार वांगड्यांक उद्देशून उलयताना मुख्यमंत्र्यान प्रत्येक वांगड्याच्या जैतात ताची वा तीची लोकप्रियता म्हत्वाची थारिल्ल्याचे म्हणले. जिल्हो पंचायत वांगड्याक सदाच कुशीक दवरपाचे प्रकार घडटाले. पुण, आता फुडल्या पाच वर्सांत जिल्हो पंचायत वांगड्यांडल्यान खुप काम करून घेवपाचे आसा आनी त्याखातीर तांकां तांचे हक्क आनी कर्तव्यां बाबतीत गीपार्डा वतीन प्रशिक्षण दिवपात येतले, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान विकास कामांखातीर प्रत्येक वांगड्याक आपले सहकार्य आसतले म्हणपाचे उतर दिले.

जिल्हो पंचायत वांगड्यांक स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाची म्हायती करून दितना मुख्यमंत्र्यान सगळ्यां वांगड्यांक आपल्या वाठारांत मानवी विकासाचेर भर दिवपाक सांगले. गोंयांक आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकारान प्रधानमंत्र्यांच्या आत्मनिर्भर भारत मोहिमेच्या धर्तेर स्वयंपुर्ण गोंय अभियान सुरू केला. थळाव्यां संस्थांक मदत करपा खातीर अधिकाऱ्यांची स्वयंपुर्ण मित्र म्हुण नेमणूक केल्या. सरकाराच्यो अनेक येवजणो आसात, पुण अनेक लोकांक तांची म्हायती ना. ते खातीर जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी गरजू लोकांमेरेन ह्यो येवजणो पावोवपा खातीर प्रयत्न करचे, अशें तांणी सांगले.

पंचायत मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी जिल्हो पंचायत वांगड्यांकडेन आपल्या वाठारांच्या विकासा खातीर एकवटान काम करपाची मागणी करून जिल्हा पंचायतीक हे आदीच विकास निधी वाडोवन दिल्ल्याचे सांगले.

गट विकास अधिकारी श्री. प्रसिध्द नाईक हांणी कार्यवळीचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/749

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji